Panaji National 22nd March 2026 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल इराणचे राष्ट्रपती डॉ. मसूद पेझेश्कियान हांचे कडेन दूरध्वनीवेल्यान संवाद साधलो. हो उत्सवाचा काळ पश्चिम आशियात, शांतता, स्थैर्य आणि समृद्धी घेवन येतलो अशी आस्त दोनूय फुडाऱ्यांनी उक्तायली.
- सरकारान राज्यांखातीर व्यावसायिक एलपीजीच्या (LPG) २० टक्के अतिरिक्त वाटपाक मंजुरी दिल्या.
- सरकारान सूक्ष्म, ल्हान, आनी मध्यम उद्देग (MSME) क्षेत्रांतल्या उत्पादक आनी निर्यातदारांक चालना दिवपा खातीर परस्पर पत हमी येवजणेंत म्हत्वाचे बदल केल्यात.

PM Iran –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल इराणचे राष्ट्रपती डॉ. मसूद पेझेश्कियान हांचे कडेन दूरध्वनीवेल्यान संवाद साधलो आनी तांका ईद आणि नवरोज सणाच्या निमित्तान शुभेच्छा दिल्यो. हो उत्सवाचा काळ पश्चिम आशियात, शांतता, स्थैर्य आणि समृद्धी घेवन येतलो अशी आस्त दोनूय फुडाऱ्यांनी उक्तायली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हाणी ह्या वाठारांतल्या मुळाव्या साधनसुविधाचेर जाल्ल्या हल्ल्याचो निशेध केलो. ह्या हल्ल्यांक लागून प्रादेशिक स्थिरतायेक धोको निर्माण जाता आनी संवसारीक पुरवण साखळेंत अडथळे निर्माण करतात अशे तांणी सांगले. नौवहन स्वातंत्र्याच्या संरक्षणाचे महत्त्व अधोरेखित करताना, जहाज वाहतूकीचे मार्ग उक्ते आनी सुरक्षीत आसा हे सुनिश्चित करप महत्वाचे आशिल्ल्याचे तांणी म्हळें.

Rajnath –

आधुनीक झुज आतां शिमे भायर वता, राश्ट्रीय सुरक्षेत अर्थीक, डिजिटल, उर्जा आनी अन्न क्षेत्रांचो आस्पाव करता अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगला.

उत्तराखंडतल्या घोराखालात सैनिक शाळेच्या स्थापना दिस आणि हीरक महोत्सवानिमित्त आयोजित कार्यावळींत ते विडिओ कॉन्फरन्सिंग वरवीं उलयताले. आयज संघर्शांत सायबर, अंतरिक्ष आनी म्हायती झुजांचोय आस्पाव जाता अशें सांगून सतर्क आनी तयार नागरिकांच्या आदारान घटमूट लश्करी सैन्याच्या गरजचेर तांणी भर दिलो.

Govt LPG –

सरकारान राज्यांखातीर व्यावसायिक एलपीजीच्या (LPG) २० टक्के अतिरिक्त वाटपाक मंजुरी दिल्या. हाका लागून एकूण वाटप 50 टक्क्यांपर्यंत पावतले, जातूंत पीएनजी विस्ताराखातीर सुगम सुधारणांच्या आधाराचेर दितात त्या 10 टक्के वाटपाचोय आस्पाव आसा. हे अतिरिक्त वाटप रेस्टॉरंट्स, ढाबे, हॉटेल्स, औद्योगिक कँटीन, दुग्ध व्यवसाय, अनुदानित कँटीन आणि राज्य किंवा स्थानिक स्वराज्य संस्थां चलयता त्या हेर क्षेत्रांक प्राधान्याच्या आदाराचेर दितले. हे संबंदी पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाचे सचीव नीरज मित्तल हांणी सगल्या राज्यांच्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या मुखेल सचीवांक चिट बरयल्या आनी हे वाटप सोमारच्यान लागू जातले असे नमूद केला. सगल्या वेवसायीक आनी उद्देगीक एलपीजी गिरायकांनी वट्ट 50 टक्के वाटपांतल्यान वेपारी एलपीजी मेळोवपाक पात्र थारचे पयलीं तेल विपणन कंपनीं कडेन नोंदणी करची पडटली अशें तांणी सांगलें.

निवेदनांत पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान म्हणलां, रिफायनरी तल्यान देशी एलपीजी उत्पादन वाडयलां. हाचे भायर मुखेल शारांनी आनी शारी वातारातल्या वेपारी एलपीजी गिरायकांक पीएनजीकडे वळपाचो सल्लो दिला. साठेबाजी आणि काळ्या बाजाराविरुद्ध कठोर कारवाई करपाचे निर्देश सरकारान दिल्यात.

MSME –

2025-26 वर्साच्या अर्थसंकल्पा प्रमाण सरकारान सूक्ष्म, ल्हान, आनी मध्यम उद्देग (MSME) क्षेत्रांतल्या उत्पादक आनी निर्यातदारांक चालना दिवपा खातीर परस्पर पत हमी येवजणेंत म्हत्वाचे बदल केल्यात.

परस्पर पत हमी येवजणे खाला, पात्र एमएसएमईंक मशीनरी आनी उपकरणां खरेदी करपा खातीर घेतिल्ल्या 100 कोटी रुपया मेरेनच्या मुदत रिणाचेर 60 टक्के हमी कव्हरेज दितात. नॅशनल क्रेडीट गॅरंटी ट्रस्टी कंपनी लिमिटेडच्या आदारान ही येवजण हमी दिवन बँके कडल्यान क्रेडीट मेळोवपाक सोंपें करता.

Trump –

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष Donald Trump हांणी इराणाक धमकी दिल्या की जर तेहरानान 48 वरां भितर होर्मुझ सामुद्रधुनी उक्ती केली ना जाल्यार अमेरिका इराणाच्या वीज प्रकल्पांचेर खर आनी विध्वंसक हल्लो करून तांचो पुरायपणान नाश करतले. ट्रम्प हांणी आयज सकाळीं ट्रूथ सोशलाचेर हो अल्टीमेटम जारी करून इराणाक म्हत्वाचे उदकामार्ग उगडपाक सारके 48 वरां दिली.अमेरिका इराणच्या वेग वेगळ्या वीज प्रकल्पांक लक्ष्य करतली आणि हाचि सुरुवात सगळ्यांत मोठ्या प्रकल्पापासून जातली अशें तांणी सांगलें.

दुसरे पोस्टांत ट्रम्प हांणी सांगले, इराणाक कबलात करपाची इत्सा आसा,पूण ताका ना कारण तांणी नियोजित वेळेच्या काय आठवडे आधीच आपली उद्दिष्टा साध्य केल्यात.

WB SIR –

अस्तंत बंगालांतल्या मतदार वळेरेंत नांवां घालप वा काडून उडोवपा संबंदी अपील आयकपा खातीर वेंचणूक आयोगान 19 अपीलीय न्यायाधिकरणांची थापणूक केल्या. राज्यांतल्या खाशेल्या सघन पुनरावलोकन (एसआयआर) प्रक्रिये खाला हें पावल उबारलां. सर्वोच्च न्यायालयाच्या आदेशाक पाळो दिवन आनी कलकत्ता उच्च न्यायालयाच्या मुखेल न्यायाधीशाच्या शिफारशीचेर आदारून हो निर्णय घेतला.

Kerala –

केरळचे मुख्य वेंचणूक अधिकारी रतन यू. केळकर हाणी स्पष्ट केला की, राज्यात मतदार वळेरेंच्या सुधारणा प्रक्रियेत सहभागी जाल्ल्या 'बूथ लेव्हल ऑफिसर्स'च्या (BLOs) सुविधांनि कपात केल्ल्या विशीचे अहवाल निराधार आसात. वेंचणूक आयोगाच्या निर्देशा प्रमाण मतदार वळेरेंतल्या सुदारणांत वांटो घेवपी बीएलओ खातीर 2,000 रुपया प्रोत्साहन रक्कम थारायल्या अशें तांणी सांगलें.

मजगती, तिनूय आघाड्यांमधलय मुखेल उमेदवारांनी, सोमारा आशिल्ल्या अंतिम मुदतीआदीच आपले उमेदवारी अर्ज दाखल केल्यात. KPCC चे अध्यक्ष सनी जोसेफ हाणी काल पेरावूर मतदारसंघाtlyan UDF चे उमेदवार म्हणून आपलो उमेदवारी अर्ज दाखल केला. भारतीय जनता पक्षान काल आपल्या उमेदवारांची तिसरी यादी जाहीर केली, तातूंत 11 नांवां आसात. कोवलाम थावन टी.एन.सुरेश, पीरुमाडे थावन व्ही.रथीश, आनी मावेलीकरा थावन अजिमोन वेंचणूक लढयातले. तेच बरोबर तिरुवनंतपुरम मतदारसंघांत सुधीर करमणा एलडीएफचो अपक्ष उमेदवार म्हूण जाहीर केला. राज्यांतल्या मतदार वळेरेंत नांवां आसपावीत करपाची निमाणी तारीख सोमारा आसा. केरळांतल्या 140 वांगड्यांची विधानसभे खातीर 9 एप्रीलाक मतदान जातलें जाल्यार 4 मे दिसा मतांची मेजणी जातली.

Jal –

जल शक्ति मंत्रालय 23 मार्चाक नवी दिल्लींत संवसारीक उदका दिस परिशद घडोवन हाडटलें. केंद्रीय जलशक्ती मंत्री सी. आर. पाटील हे, सरकार आणि उद्योग क्षेत्रातल्या वरिष्ठ प्रतिनिधीं संयत, या परिषदेच्या उद्घाटन सत्राक उपस्थित रावतले. "उदका खातीर उद्देग" ह्या विशयाचेर javpi ही परिशद शाश्वत उदक वेवस्थापन संबंदी संवाद, नवाचार आनी सहकार्या खातीर राष्ट्रीय मंच म्हणून काम करतली अशें मंत्रालयान सांगलां.

संयुक्त राश्ट्रांच्या महासभेन 22 मार्च हो संवसारीक उदक दीस म्हणून घोषित केला. १९९३ सावन हो दिस दर वर्सा मनयता.

Taragiri –

भारतीय नौदळ फुडल्या म्हयन्याच्या तीन तारखेक आपली नवी स्टील्थ फ्रिगेट , तारागिरी (एफ 41) नौदळाच्या ताफ्यात आसपावीत करपाच्या तयारीत आसा.संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांच्या अध्यक्षतेखाला विशाखापट्टणमत हो सुवाळो जातलो.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आज उप-हिमालयीन पश्चिम बंगाल आणि सिक्कीमात काय सुवातींनी वादळी वारे मारपाची शक्यताय उक्तायल्या.

Cricket –

भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळ (BCCI)न काल  जून महिन्यात आयर्लंड आड जावपा आशिल्ल्या दोन मॅचींच्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय माळे खातीर भारतीय दादल्यांच्या पंगडाचे वेळापत्रक जाहीर केले. भारतीय पंगड पयली टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅच 26 जून दिसा बेलफास्टांत खेळटलो, जाल्यार दुसरी टी-20 मॅच 28 जून दिसा त्याच सुवातेर जातली.

Squash –

अव्वल मानांकित आणि गतविजेते अनाहत सिंग हाणें काल मुंबईत जाल्ल्या 'इंडियन ओपन - PSA स्क्वॉश टूर कॉपर' स्पर्धेच्या उपांत्य फेरीत भारताच्या तन्वी खन्नाचेर ३-१ अशे जैत मेळोवन फायनलींत पावलं घाले. आता आज फायनलींत ते द्वितीय मानांकित इजिप्शियन खेळगडी हाना मोअताझ आड खेळतले.
दादल्यांच्या एकोड्या गटांत भारताचो वीर छोटराणीन मलेशियाचो संजय जीवाक 3-1 असो हारोवन फायनलींत आपली सुवात मेळयली. आज फायनल मॅचींत वीर छोटराणी आनी अभय सिंगा हांच्या मदि खेळ जातलो. आदीं, काल सांजवेळा मुंबयंत जाल्ल्या सेमीफायनलींत अभय सिंगान मलेशियाच्या अमीशेनराज चंद्रनाचेर 3-1 अशें जैत मेळोवन दादल्यांच्या एकोडी गटाच्या फायनलींत पावल घाले.